# ग्रामीण पर्यटन साधनसुविधां कामांची पायाभरणी

ता.23 मार्च 2018
2 चैत्र 1940

पर्यटनमंत्री श्री. मनोहर आजगांवकर हांणी काल पेडण्या ग्रामीण पर्यटन साधनसुविधा विकास कामांची पायाभरणी केली. ग्रामीण पर्यटनाक प्रोत्साहन दिवपाखातीर आकर्शक प्रवेश आर्क, रोशणाय, रस्त्यांचे रूंदीकरण आनी हेर सुशोभिकरणाची कामा पूर्ण करपात येतली.

हयावेळार उलयताना श्री. आजगांवकर हांणी पेडणे तालुक्याचो विकास करपाखातीर लोकांनी सरकाराक सहकार्य करपाची मागणी केली. पेडणे तालुक्यात आंतरराष्ट्रीय स्टेडियम, मोपा विमानतळ अशा मोठया प्रकल्पासयत सुशोभिकरण, रस्त्यांचे हॉटमिक्स आनी हेर वेगवेगळी कामां रोखडीच सुरू जातली, अशेंय तांणी सांगले.

हया वेळार पेडणे नगरपालिकेची नगराध्यक्षा श्रीमती श्रध्दा माशेलकर, उपनगराध्यक्ष श्री. प्रशांत गडेकर, आदले नगराध्यक्ष डॉ. वासुदेव देशप्रभू, विर्नोडाचे सरपंच श्री. भारत गावडे, उपसरपंच श्रीमती अर्पणा परब, आदले आमदार श्री. परशुराम कोटकर आनी सरकारी अधिकारी हजर आशिल्ले.